NATIONAL NEWS

27TH DEC 2025 6.30 PM

१०५

गिरायक वेव्हार खात्याच्या मुखेल उपक्रमांपैकी एक  राष्ट्रीय गिरायक हेल्पलायनीन 31 मळावेल्या 45 कोटी रुपयांचो   परतावो दिवपाची   सुविधा दिल्या. फाटल्या आठ म्हयन्यांत ह्या उपक्रमांतल्यान 67 हजारां वयर गिरायक कागाळींचे   निवारण केला अशी म्हायती गिरायक वेव्हार, अन्न आनी भौशीक वितरण मंत्रालयान दिल्या. ई-कॉमर्स क्षेत्रांत सगळ्यांत चड कागाळी आनी परतावो मेळ्ळा आनी तातूंत 39 हजारां वयर कागाळी आयल्यात आनी ताका लागून 32 कोटी रुपयांचो   परतावो मेळ्ळ्या   अशे  मंत्रालयान मुखार   सांगलें . ते भायर , खटला दाखल करच्या  पयलींच्या पांवड्यार कागाळींचे निवारणा खातीर देशभरांतल्या गिरायकां खातीर हि  हेल्पलायन एकूच संपर्क बिंदू म्हणून उदेला अशेंय मंत्रालयान स्पष्ट केलां. गिरायकांक टोल फ्री क्रमांक 1915 वरवीं 17 भाशांनी आपल्यो कागाळी नोंद करपाक मेळटात.

१००

केंद्रीय कार्मिक, भौशीक कागाळी आनी पेन्शन राज्यमंत्री डॉ जितेंद्र सिंग सोमारा पुण्यांत केंद्र सरकाराच्या आनी बँकच्या कर्मचाऱ्यां खातीर  निवृत्ती पयलींच्या 58व्या समुपदेशन कार्यशाळेचें उक्तावण करतले.निवृत्त कर्मचाऱ्यांच्या फायद्या खातीर आयोजीत केल्ली ही कार्यशाळा निवृत्तीवेतनधारकांची   जिण  सोंपें करपा खातीर एक क्रांतीकारी पावल आसा  अशें कार्मिक, भौशीक कागाळी आनी पेन्शन मंत्रालयान म्हळा. निवृत्त कर्मचाऱ्यांचें संक्रमण सोंपें करपा वागडाच    सेवानिवृत्ती लाव,    भविष्य पोर्टल, एकत्रीत पेन्शनर पोर्टल आनी डिजिटल लायफ प्रमाणपत्र हांचेर वेगवेगळे सत्र आयोजीत करतले अशें मंत्रालयान मुखार  म्हळा.ते भायर निवृत्त अधिकाऱ्यांच्या फायद्या खातीर निवृत्तीवेतनधारक जागृताय कार्यावळय घडोवन हाडटले. 58व्या पीआरसी कार्यशाळे वेळार पेन्शन दिवपी बँकांचें प्रदर्शनय घडोवन हाडटले, जातूंत जायत्यो बँको सक्रीयपणान वांटो घेतले अशें मंत्रालयान  सांगलें.

राष्ट्राध्यक्ष द्रौपदी मुर्मू आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज शीखांचे धाव आनी निमाण्या गुरू श्री गुरू गोविंद सिंगाच्या शुभ प्रकाश उत्सवानीमताना देशवसियांक परबीं दिली. श्री गुरू गोविंद सिंगान आपल्या अदमती धैरान आनी दुर्मिळ बुद्धीन लोकांक धर्मपरायणतायेचें जिवीत जगपाची प्रेरणा दिली अशें अध्यक्षान सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत सांगलें.  प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें की श्री गुरू गोविंद सिंग हे धैर्य, करुणा आनी त्यागाची प्रतिमूर्ती. धाव्या शीख गुरूचें जिवीत आनी शिकवण मनशाक मनशाचो स्वाभिमान तिगोवन दवरून सत्य, न्याय आनी नीत हांचे खातीर उबे रावपाची प्रेरणा चालूच दवरता अशें तांणी नदरेक हाडलें. श्री गुरू गोविंद सिंग हांची सेवा आनी निस्वार्थ कर्तव्याची नदर जायत्या पिळग्यांक मार्गदर्शन केल्या अशें प्रधानमंत्रीन फुडें सांगलें.

केंद्रीय भलायकी मंत्री जगत प्रकाश नड्डा हांणी मिशन-मोडाचेर भालाय्की जातनाय करपाचो उलो मारला आनी क्षयरोग मुक्त भारताचें ध्येय साध्य करपाच्या यत्नक गती दिल्या  . काल नवी दिल्लींत मध्य प्रदेश आनी छत्तीसगढच्या अधिकाऱ्यां कडेन जाल्ले उच्च पांवड्यावेले पुनरावलोकन बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळटना श्री नड्डा हांणी वखदां खर नियंत्रण आनी पुराय पुरवण साखळीचेर सतत नियंत्रण दवरपाचें म्हत्व सांगलें.

नेटान वाडपी प्रवासाची मागणी पुराय करपाखातीर भारतीय रेल्वे कंपनीन 2030 मेरेन 48 मुखेल शारांनी रेल्वेची क्षमता दुपेटीन वाडोवपाची येवजण आंखल्या.ह्या शारांनी दिल्ली, मुंबय, कोलकाता, चेन्नई, हैदराबाद, बेंगळुरू, पाटना, भोपाळ आनी पुरी हांचो आस्पाव जाता. हाका लागून फुडल्या वर्सांनी येरादारीची गरज भागोवपाक मजत जातली अशें रेल्वे मंत्रालयान सांगलां. रेल्वे मंडळाचे अध्यक्ष सतीश कुमार हांणी सगल्या विभागीय रेल्वे सरव्यवस्थापकांक पत्र बरोवन आपल्या विभागांची गाडयो हाताळपाची तांक वाडोवपाक सांगलां. शारी वाठारांनी आनी ताचे भोंवतणी नवे टर्मिनल

वळखून बांदपाक सांगलां. दोनूय क्षेत्रांची खाशेली गरजो मतींत दवरून उपनगरीय आनी उपनगरांतल्या दोनूय येरादारी पद्दतीं खातीर हें करतले.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवाणीच्या 'मन की बात' कार्यावळींतल्यान देशातल्य तशेच विदेशातल्या भारतीय लोक मुखार आपले विचार मान्द्तले. आकाशवाणीच्या म्हयन्याळ्या मन की बात' कार्यावळीचो हो 129वो वाटो आसा . हि कार्यावळ आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाचे पुराय air न्यूज संकेतथळ आनी न्यूजएनएअर मोबायल अप्पाचेर प्रसारीत जातली. तशेंच एअर न्यूज, डीडी न्यूज, पीएमओ आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलाचेर ताचे थेट प्रसारण जातलें. आकाशवाणीचेर हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडीच प्रादेशिक भाशांनी हि कार्यावळ प्रसारीत जातली.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे येजमान्केखाला नवी दिल्लींत मुखेल सचीवांचे पांचव्या राष्ट्रीय परिशदेक सुरुवात जाली . फाल्यांय तो परिशदेचे अध्यक्षपद सांबाळटलो. काल सुरू जाल्ल्या तीन दिसांच्या परिशदेचो हेत राष्ट्रीय उदरगतीच्या प्राधान्यांचेर संरचीत आनी टिकावू संवादांतल्यान केंद्र-राज्य भागीदारी घटमूट करपाचो आसा. ही परिशद 'विकसीत भारता खातीर मनीस भांडवल' हे संकल्पनेचेर केंद्रीत आसा, जातूंत राज्यांनी आनी संघराज्यांनी आपणावपाच्यो उत्तम पद्दती आनी धोरणां आसपावीत आसात. हे संकल्पने खाला, सुरवातीच्या भुरगेपणांतलें शिक्षण, शाळेचें शिक्षण, कुशळटाय उदरगत, उच्च शिक्षण, खेळ आनी अभ्यासक्रमाच्या भायर कार्यावळी अशा पांच मुखेल वाठारांनी सविस्तर चर्चा करपाचेर खासा भर दिला .